# मायक्रो,लघू आनी मध्यम उद्‌देगाखातीर सर्टिफिकेशन आनी जागृती शिबीर जाले

ता.2 एप्रिल 2018
12 चैत्र 1940

उद्‌देग खात्यान ता. 26 ते 29 मार्च 2018 मेरेन गोंयातल्या चार उद्‌देगीक वसाहतीनी झीरो इफेक्ट झीरो डिफेक्ट सर्टिफिकेशन येवजणेविशी जाग्रृती आनी नोंदणी शिबिरांचे आयोजन केल्ले.  ही शिबिरा भारतीय दर्जा मंडळाच्या झेडईडी विभाग, गोंय उद्‌देगीक विकास महामंडळ, गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स अ‍ॅण्ड इंडस्ट्री आनी गोवा लघू उद्‌देग संघटनेच्या सहकार्यान आयोजित करपात आयिल्ली.

उद्‌देग खात्याचे कार्यकारी वेवस्थापक श्री. हिमांशू पाटणेकर हांणी शिबीरात सहभागी जाल्ले उद्‌देजक आनी प्रतिनीधीक येवकार दिवन येवजणेची उद्‌दीश्टां पटोवन दिली.

भारतीय दर्जा मंडळाचे पालवी संचालक श्री. माणिक गुप्ता हांणी येवजणेविशी सादरीकरण करतना उत्पादनाचो दर्जो, झीरो डेफॅक्ट, प्रदुशण कमी करप, उत्पादन वाड, वेपार आनी संबंदीत विशयांचेर माहिती दिली.

खात्याचे कार्यकारी वेवस्थापक श्री. प्रशांत कामत हांणी चडात चड उद्‌देजकांनी ह्या येवजणेखाला नोंदणी करून येवजणेचो लाव घेवपाक सांगले.

खात्याच्यो वेवस्थापकीय संचालीका श्रीमती दर्शन नारूलकर, उद्‌देग खात्याचे अधिकारी श्री. अक्षय पोतेकर, सतीश गावकर, सय्यद हादी, नागेश मोरजकर, अजीत नाईक, भारतीय दर्जा मंडळाचे श्री. रवीकांत कुमार आनी हेर अधिकारी शिबीराक हजर आशिल्ले.

श्री. सतीश गावकर हांणी निमणे उपकार मानले.